**खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळावतीन जागृताय शिबीरांचे आयोजन**

ता. 11 ऑक्टोबर 2021

गोंय खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेचो एक भाग म्हुण साबार कडेन जागृताय शिबीरांचे आयोजन केला.

मंडळावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची जागृताय करप, प्रस्ताव तयार करपाक आनी ते ई-पोर्टलाचेर अपलोड करपाक अर्जदारांक/उद्देजकांक मार्गदर्शन करप हो शिबीरांचो उद्देश आसा.

ता. 12 ऑक्टोबराक बाळ्ळी केपे, ता. 13 ऑक्टोबराक कुंकळ्ये- म्हार्दोळ आनी ता. 14 ऑक्टोबराक कुळें धारबांदोडा हांगा सकाळी 11.30 वरांसावन शिबीर आयोजीत करपात येतले.

गोंय खादी आनी ग्राम उद्देग मंडळाच्या येवजणांचो लाव घेवपाक इत्सुक आशिल्ल्या लोकांनी शिबीराक उपस्थित रावचे, अशें आयोजकांनी कळीत केला.

मंडळावतीन प्रधानमंत्री रोजगार निर्माण कार्यक्रम, म्होवामुस पोसपाची येवजण आनी हेर येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता.

चड म्हायती खातीर इत्सुकांनी सहाय्यक विकास अधिकारी श्री. विजयानंद नाईक (मो. नं. 8378948539) हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/842

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji